**Panaji National News**

**22 May 2026** **6.30pm**

**भारत आनी सायप्रस**

भारत आनी सायप्रस हांचा मधी  आयज वेगवेगळ्या मळार जायत्या कबालातीन्चे आयज नवी दिल्लींत आदान-प्रदान जाले., तातूंत आतंकवादाचो विरोद , नवनिर्माण आनी तंत्रगिन्यान, उच्च शिक्षण आनी संशोधन तशेच  संस्कृतीक सहकार्याचेर एकवटीत  कार्यपंगड स्थापन करप हांचो आस्पाव जाता. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सायप्रसाचे राष्ट्रपती  निकोस क्रिस्टोडौलिडीस हांचे कडेन विंगड विंगड वाठारांनी द्विपक्षीय सहकार घटमूट करपा विशीं चर्चा केली.तशेंच बहुपक्षीय मंचाचेर सहकार्या सयत प्रादेशिक आनी संवसारीक म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर मतांचो आदान-प्रदान केलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपल्या संयुक्त निवेदनांत भारत आनी सायप्रस हांचे मदली इश्टागत फकत घटमूट न्हय तर फुडाराकय उरतली  अशें सांगलां. फाटल्या दशकांत सायप्रसा सावन भारतांत गुंतवणूक सुमार दुपेटीन वाडल्या अशें तांणी सांगलें. भारत-युरोपीय संघ मुक्त वेपार काबालातिक लागून जायत्यो नवे  शक्यताय निर्माण जाल्यात आनी दोनूय देशां मदलो विस्वास वाडला अशें तांणी सांगलें. Byte

**रोजगार प्रधानमंत्री**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळीं 19व्या रोजगार मेळाव्यांत व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांतल्यान वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांतल्या आनी संघटनांनी नव्यान नेमिल्ल्या तरणाट्यांक 51 हजारां परस चड नेमणूक पत्रां वांटतले. श्री मोदीय ह्या निमतान मेळाव्याक संबोधित करतले.

**घरमंत्री अमित शाहा**

पुराय शिमो आनीकय अभेद्य करपा खातीर सरकार स्मार्ट बॉर्डर प्रकल्प सुरू करतले अशें केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हानी  सांगलां. आयज नवी दिल्लींत बी एस एफ च्या एका  सुवाळ्यांत ते उलयताले  . ह्या प्रकल्पांत ड्रोन, रडार, कॅमेरे, आनी हेर तंत्रीक साधनां आसतले. फुडल्या एका वर्सा भितर स्मार्ट बॉर्डर संकल्पने खाला शिमेचेर सुरक्षा दळाच्या सुरक्षा वेवस्थेंत सगळ्या प्रकारच्या तंत्रगिन्यानाचें एकीकरण करून अभेद्य शिमेची सुरक्षा चौकटी तयार करपाचे दिकेन काम फुडें वता अशेंय श्री शाहा हाणी मुखार  सांगले. Byte

**वीज मागणी**

देशांतल्या जायत्या वाठारांनी वाडिल्ल्या तापमानाक लागून फाटल्या चार दिसांत भारताची वीज मागणी नव्या विक्रमी पांवड्यार पावली, अशें सरकारान सांगलें. काल दिसांतल्यान वीजेची चडांत चड मागणी 270.82 गीगावट आशिल्ली आनी ताका लागून आदले सगळे विक्रम मोडले अशें वीज मंत्रालयान सांगलां.बिरेस्तारा 265 गीगावट परस चड, जाल्यार सोमारा आनी मंगळारा 257 आनी 260 गीगावट परस चड मागणी आशिल्ली. दिसाची चड मागणी चड करून दनपारां 2 ते 4 वरां मजगतीं जाता अशें तातूंत म्हणलां. नागरिकांनी वीज सांभाळून  वापरचो  उलो  सरकारान माल्ला.

**संरक्षण मंत्री**

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज समाजसुदारक राजा राममोहन रॉय हांच्या जयंती निमतान तांका आर्गा ओपल्यात . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री सिंग हाणी सांगलें की राजा राममोहन रॉय सतीची चाल , अंधश्रध्दा, आनी अमानवी परंपरे आड झुजलें आनी ताका लागून आधुनीक भारताची बुन्याद घट जाली. राजा राम मोहन रॉय हांचो पुरोगामी विचार आनी समाजीक सुदारणे खातीर आशिल्लो समर्पण देशांतल्या लोकांक सदां खातीर प्रेरणा दितले अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी म्हटला.

**क्रिकेट**

आय पी एल क्रिकेट सर्तींत आयज हैदराबादेंत सनरायझर्स हैदराबाद आनी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू हांचे मदीं खेळ जातलो . सांजवेळा 7.30 वरांचेर खेळ सुरू जातलो . काल रातीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत गुजरात टायटन्सान चेन्नई सुपर किंग्स पंगडाक 89 धांवड्यांनी हारयलो.

**हवामान**

भारती हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन उत्तर प्रदेश, मध्य प्रदेश आनी विदर्भाचेर उश्णतायेची ल्हारां येवापाचो अजमास आशील्यान रेड alert जरी केला. दिल्ली, हरियाणा आनी चंडीगढाचेर उश्णताय ल्हारां खातीर ओरेंज alert जारी केल्या. तशेंच फुडल्या दोन दिसांत बिहार, छत्तीसगढ, ओडिशा, पंजाब, राजस्थान, तेलंगना आनी आंध्र प्रदेशाचेर उश्णताय ल्हारांचो अदमास आसा. फाल्यां मेरेन गंगेटिक अस्तंत बंगाल आनी ओडिशाचेर उश्ण आनी दमट हवामानाचो अदमास आय एम डीन उक्तायला..